PANAJI REGIONAL NEWS

01 July 2025, 7.20pm

## Bankers' Conclave

शेतकी पिकावळ, नुस्तेपोसवण, फुला, फळा, बाजयो , दुंद  हे विंशी गोंय आता स्वयपुर्ण जावपाक लागला. महत्वाचे म्हणल्यार ह्या सगळ्या मलार बायलांनी फुडाकार घेतिल्लयान आयज  गोंय संबंधित  वस्तु हेर राज्यातल्यान आयात करपाच्य प्रमाणात 25 टक्के घट जाला . जाल्यार  गोंयांत  रोयिल्लयो 10 टक्के भाजयो आता गोंयासांवन निर्यात जाता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंय हे  आंतरराश्ट्रीय पर्यटन राज्य, मात पर्यटना बरोबरुच शेतकी मळार लेगीत  गोंयात खुब संद आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज State Level Bankers' Conclave चे पणजे उक्तावण जाले. त्यावेळार ते उलयताले.ही परीशद आयज आनी फाल्या अशे दोन दिस चलतली.गोंयच्या आप मजत गट वेगवेगळय वस्तु, तशेच शेतकी उत्पन घेतात,  तांका सक्षम करपाक बॅकांनी तांका अर्थिक  नदरेतल्यान सराकराच्य वेगेवगल्या येवजणेवरवी मजत करची अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. प चडान चड प्रशासकीय सेवा डीजीटल माध्यमातल्यान लोकामेरेन तांचो लाव पावोच्य नदरेतल्यान सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. तंत्रगिन्यान, नाविन्य, संशोधन, तशेंच  डीजीटलायजेशनाच्या माध्यमातल्यान आप मजत गट खुब  फुडे सरकापक शकता अशे तांणी म्हळा.गोंयांत  सध्या 3250 आप मजत गट आसात. जाल्यार हातुल्लया 1120  आप मजत गटांनी बॅकाकडल्यान रिण घेवन स्वतचो वेवसाय सुरु केला. उरील्ले आप मजत गटांनी फुडाकार घेवन स्वतच्य गटाक सक्षम करचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला. जाल्यार 170 आप मजत गटांचे म्हयनुकी उलाढाल 13 लाख रुपया इतकी आसा. 14 आप मजत गट कॅन्टीन चलयता, ह्या सगळयातल्या गावगिऱ्या वाठारातली 23 हजार बायला सक्षम जाल्यात. जाल्यार3250

आप मजत गटापैकी 1120 गटांक  बॅंकीनी आता मेरेन वेवसाय करपाखातीर 340 कोटी रुपया रिण दिल्या अशी म्हायती  ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

फॉर्मेलीनमुक्त नुस्तें

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान मार्च ते जून ह्या म्हयन्यांत फॉर्मालीन खातीर २ लाख नुस्त्यांच्या नमुन्यांची तपासणी केली. सगले अहवाल नेगेटिव्ह आयिल्ल्या गोंयकारांक फॉर्मालीनमुक्त आनी दर्जेदार नुस्त्याची पुरवण जाता, अशें अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याचे मंत्री विश्वजित राणे हांणी ट्विट करून सांगलें.गोंयांत फॉर्मालीनाच्या नुस्त्याची पुरवण जाल्ल्याचो आरोप अदींमदीं जायत आसता. ह्या आरोपांचे फाटभूंयेर तांणी दिली.सात वर्सां आदीं नुस्त्या मदीं फॉर्मालीन सांपडिल्ल्यान राज्यांत बोवाळ निर्माण जाल्लो. २०१९ वर्सा उपरांत क्वालिटी कंट्रोल ऑफ इंडियाच्या (क्यूसीआय) च्या सहकार्यान पोळे वआनी पत्रादेवी हांगचे चेकनाके तशेंच मडगांव नुस्तें मार्केटांत नुस्त्यांची तपासणी जाता.  २०१९ उपरांत पोळे हांगा ३३८०५ नमुने, पत्रादेवी ३३९८९ नमुने जाल्यार मडगांवां नुस्तें मार्केटांत १३२७१७ नमुन्यांची तपासणी जाल्या, अशें तांणी सांगलें.

हज- गोंयांत पावले

मडगाव: मुस्लीम भावांचे पवित्र धार्मिक स्थळ जावन आशिल्ल्या मक्केक जावपी हज यात्रेक गोंय सावन गेल्ले भाविक आयज परत आयले.काल हे भाविक मुंबय पावील्ले. मुंबयसावन आयज रेल्वेन ते गोया आयले.मडगावच्या रेल्वे स्थानकाचेर भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांच्यासयत मडगावचे आमदार दिगंबर कामत,नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, वास्कोचे आमदार दाजी साळकार तसेच गोंय हज समितीचे अध्यक्ष उर्फान मुल्ला हांणी तांकां येवकार दिलाे.गोंयांतले भाजप सरकार सगळया धर्मांतल्या लोकांक समान वागणूक दिता. गोंयसावन हज यात्रेक वचपी भाविकांक गोंय सरकारान आदार केल्लो. त्याचप्रमाणे संत फ्रान्सिस झेवियराच्या पवित्र अवशेशाचे प्रदर्शन आशिल्ले त्यावेळारय लोकांक कसल्याय त्रासाविना ह्या उत्सवात भाग घेवपाक मेळचो ह्याखातीर सरकारान सगळे प्रयत्न केल्ले अशें नायक हांणी ह्यावेळार सांगलें.ह्यावेळार हाजी तिर्थयात्रेकरुंनी आपले अणभव सांगलें. हज समितीचे अध्यक्ष उर्फान मुल्ला हांणी सगल्यांक येवकार दिलो आनी उपरांत तांणीच उपकार मानले.

सांग्यार कार्यक्रमाचे  आयोजन

धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियाना खाला ता. 3 जुलय 2025 दिसा सकाळी 10.00 वरा सावन सांगे नगरपालिका मंडळाच्या सभाघरांत मेगा कार्यक्रमाचे आयोजन केला. केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्री श्री. ज्युएल ओराम, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, सभापती श्री. रमेश तवडकर, लोकसभा खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडिस, आमदार आनी जी टी डी सी चे अध्यक्ष श्री. गणेश गावकार, आमदार श्री. निलेश काब्राल, श्री. एल्टन डिकॉस्ता आनी हेर मानेस्त ह्या कार्यक्रमात उपस्थित रावतले.

कार्यक्रमात मानेस्तांच्या  हस्तुकीं केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या येवजण्यांच्या लावधारकांक मंजूरी पत्रां, रान हक्क दाखले भेटोवपात येतले. तशेंच कार्यक्रमात भलायकी तपासणी, कॅन्सर तपासणी आनी दांत तपासणी शिबीर आयोजीत करतले. ह्या शिबीरात आदिवासी समाजातल्या लोकांक आधार कार्ड, रेशन कार्ड, आयुषमान भारत कार्ड, जातीचो दाखलो, पीएम-किसान कार्ड, जन धन खाते, एलपीजी कनेक्शन आनी हेर येवजण्यांचो लाव घेवपा खातीर सेवा दितले. नागरिकांनी ह्या शिबीरांतल्या सेवांचो लाव घेवचो,  अशें आयोजकांनी मागला.

कृशी अभियांत्रिकी

कृशी संचालनालयान महाराष्ट्र राज्यांतल्या दापोली रत्नागिरी हांगाच्या डॉ. बाळासाहेब सावंत कोंकण कृशी विद्यापिठात बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमाक प्रवेश घेवपा खातीर पात्र विद्यार्थ्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान कोंकण कृशी विद्यापिठा कडेन केल्ल्या समजीकाय कबलाती प्रमाण बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमा खातीर दर वर्सा गोंयच्या दोन विद्यार्थ्यांक पुरस्कृत करतात.इत्सुक विद्यार्थ्यांनी कृशी संचालनालय, कृशी भवन, टोंक करंजाळे हांगा अर्ज करपाक जाय. बी. टॅक कृशी अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमा खातीर जेईई मेन निकालाचेर विद्यार्थ्यांची निवड जातली.विहित नमुन्यातले अर्ज कृशी संचालनालय, कृशी भवन, टोंक करंजाळे हांगा उपलब्ध आसात वा कृशी संचालनालयाच्या www.agri.goa.gov.in  ह्या वेबसायटी वयल्यान डावनलोड करून घेवपाक शकतात. पुराय भरिल्ले अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 8 जुलय 2025 आसा.

राष्ट्रीय पुरस्कार 2025

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरणा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार 2025 खातीर अर्ज आपयल्यात.पुरस्कारां खातीर ऑनलायन अर्ज/नामांकन मेळोवपा खातीर राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टल (www.awards.gov.in) उक्तें केलां.दर वर्सा 3 डिसेंबराक आंतरराष्ट्रीय अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो दीस मनोवपा खातीर दिवपी हे प्रतिश्ठीत नागरी पुरस्कार अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक आनी संस्थांक दिव्यांगजान सशक्तीकरण आनी आस्पाव करपा खातीर तांणी केल्ल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर आनी योगदाना खातीर भोवमान करतात.पुरस्कारांचो हेतू समावेशी सहभागाक प्रोत्साहन दिवप, शिक्षण, रोजगार, नवनिर्माण, समाजीक सेवा, आनी सुलभताय ह्या सारक्या मळार मेळिल्ल्या कामगिरीचेर भर दिवप आनी समाजांतल्या अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक मुखेल प्रवाहांत हाडप.ऑनलायन नामांकन प्रक्रिया 15 जुलय 2025 मेरेन उक्ती उरतली.नामांकनां फकत राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टला वरवीं मान्य जातली. सविस्तर मार्गदर्शक तत्वां संकेतथळारय उपलब्ध आसात: www.depwd.gov.in.

अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यान, पोर्वोरिम हांणी अपंगत्व क्षेत्रांतल्या सगळ्या पात्र व्यक्तींक, एनजीओ, संस्थांक, आनी भागधारकांक अर्ज करपाची वा पात्र उमेदवारांची नामांकन करपाची विनंती केल्या.